Panaji National 31st August 2025 8.40 am

शांघाय सहकार्य संघटनेच्या राष्ट्रप्रमुखांच्या परिषदेची २५ वी  बसका आयज चीनांतल्या थिअनचिन शारांत सुरू जातली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  ह्या बसकेंत वांटो घेतले. प्रधानमंत्री  मोदी एससीओ वांगडी देशांच्या फुडाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा आज अहमदाबाद महानगरपालिकेच्या  वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी भारत बेगीनूच संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जातली अशें म्हळां.

कझाकस्तानांतल्या शिमकंदात जाल्ल्या सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत भारतान इतिहासीक कामगिरी केल्या.   भारतान 50 भांगरा पदकां जिखून पदकतालिकेत पयली सुवात मेळयली.

PM SCO – 70

शांघाय सहकार्य संघटनेच्या (एससीओ) राष्ट्रप्रमुखांच्या परिषदेची २५ वी  बसका आयज चीनांतल्या थिअनचिन शारांत सुरू जातली. ह्या शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  थिअनचिनाक पावल्यात. दोन दिसांच्या ह्या विचारविनिमयांत 20 परस चड देशांतले वरिश्ठ फुडारी आनी 10 आंतरराष्ट्रीय संघटनांचे मुखेली वांटो घेतात.चीन पाचव्यांदा एससीओ शिखर परिषदेचे आयोजन करता. ही बसका राष्ट्राध्यक्ष षी चिनफिंग हांच्या अध्यक्षतेखाला जाता. चीनाच्या अध्यक्षपदा खाला २०२५ वर्स "एससीओ सातत्य उदरगतीचें वर्स" अशें जाहीर केलां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज चीनांतल्या थिअनचिन शारांत एससीओ वांगडी देशांच्या फुडाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले.

PM Zelensky – 55

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल युक्रेनचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडीमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन दूरध्वनी वरवीं संवाद सादलो. ह्या वेळार राष्ट्राध्यक्ष झेलेन्स्की हांणी युक्रेना संबंदीत हालींच्या घडणुकां विशीं आपली मता मांडली. मोदी हांणी राष्ट्राध्यक्ष झेलेन्स्की हांचे उपकार मानले आणि संघर्षाचेर शांततायेन तोडगो काडपाखातीर आणि बेगीनात बेगीन शांतता पुनर्संचयित करपाखातीरच्या प्रयत्नां प्रति भारताच्या खंबीर आणि सातत्यपूर्ण भूमिकेक दुजोरो दिलो.

Maan Ki Baat – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 125वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी न्यूजनेअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

Amit Shah – 55

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा आज अहमदाबाद महानगरपालिकेच्या (एएमसी)च्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. हातूंत गांधीनगर लोकसभा मतदारसंघात पुनर्विकसित बाग आणि शहरी आरोग्य केंद्रांच्या दोन नव्यान बांधिलल्या इमारतींचो आस्पाव आसा. शाह आयज सांजवेळा अहमदाबाद नगरपालिकेच्या मिशन मिलियन प्रकल्पा खाला दोन झाडां लावपाच्या मोहिमांनी वांटो घेतले. शाह गांधीनगरांत भौशीक प्रकल्पाचें उक्तावण करतले आनी भौशीक बसकेंतय उलोवप करतले.

Vaishnaw – 90

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल उत्तर प्रदेशांतल्या नोयडात मोबायल फोनां खातीर देशांतल्या पयल्या टेम्पर्ड ग्लास उत्पादन प्रकल्पाचे उक्तावण केलें. टेम्पर्ड ग्लास हो मोबायल फोनां खातीर म्हत्वाचो ॲक्सेसरीज आसा आनी ताचें स्वदेशी उत्पादन मेक इन इंडिया आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोनाच्या दिकेन एक व्हड पावल आसा अशें ह्या वेळार उलयतना मंत्र्यांनी सांगलें. फाटल्या 11 वर्सांत भारतांत इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादनांत

स पटींनी वाड जावन 11.5 लाख कोटी जाला, 3 लाख कोटी परस चड निर्यात जाल्या आनी 25 लाख लोकांक प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार मेळ्ळा अशें तांणी सांगलें.
BYTE
RBI – 100
भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी भारत बेगीनूच संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जातली अशें सांगलें, आनी देशाच्या विकासाक चालना दिवपाचे श्रेय तांणी प्रधानमंत्री जन धन येवजणेक दिलें.चालू वित्तीय वर्साच्या एप्रिल-जून तिमाहींत भारताचो जीडीपी ७.८ टक्क्यांनी वाढला. इंदौरांतल्या रंगवासा गांवांत सरकारी बँकांच्या अर्थीक समावेशन मोहिमेक "संतृप्ती शिवीर"रात उलयतना मल्होत्रा हांणी सांगलें, केंद्र सरकार आनी आरबीआय हांणी 11 वर्सां आदीं बँकांच्या सहकार्यान जनधन येवजण सुरू केलली, जाका लागून देश भरांत उदरगत जाल्या.देशाच्या विकास प्रवासात सगळ्या घटकातल्या लोकांचो सहभाग सुनिश्चित करपाखातीर, तांका बचत, पेन्शन, विमा, क्रेडिट आणि हेर सेवा प्रदान करपाखातीर ह्या योजनेअंतर्गत ५५ कोटी खाती उघडल्यात अशे आरबीआयच्या गव्हर्नरान म्हळें.
GDP – 150
चालू आर्थिक वरसाच्या एप्रिल-जून तिमाहीत भारताचे वास्तविक सकल घरेलू उत्पादन (GDP) ७.८ टक्के दरान वाढपाचो अदमास आसा. पांच तिमाहींतलो हो सगळ्यांत चड आसा.फाटल्या वित्तीय वर्साच्या चवथ्या तिमाहींत जीडीपी 7.4 टक्के जाल्यार फाटल्या वित्तीय वर्साच्या पयल्या तिमाहींत 6.5 टक्के आशिल्ली.सांख्यिकी आनी कार्यावळी अंमलबजावणी मंत्रालयान जाहीर केल्ल्या पयल्या तिमाहीच्या आंकड्यां प्रमाण nominal जीडीपींत 8.8 टक्क्यांनी वाड जाल्या.
केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी म्हळां, भारत हे सुधारणाचेर चलपी जागतिक विकास इंजिन आसा.
BYTE
पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हाणी सांगले की, जीडीपी वाढीचो दर ७.८ टक्के आसा आनी हाज भारताच्या ऊर्जा वापरावर सकारात्मक परिणाम जातलो. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना पुरी हाणी सांगले भारताचो ऊर्जेचो वापर जागतिक प्रमाणापेक्षा तिप्पट आसा आणि सरकार रिफायनिंग क्षमता मजबूत करपाखातीर आणि हरित ऊर्जेक प्रोत्साहन दिवपाखातीर साबार पावला उबारता.
Telangana – 55

तेलंगणा राज्य मंत्रीमंडळान राज्याच्या पंचायत राज कायदो 2018 त दुरुस्ती करपाचो निर्णय घेतला.हाका लागून सप्टेंबरांत जावपी राज्यांतल्या ग्रामीण थळाव्या संस्थांच्या वेंचणुकांनी आरक्षणाची मर्यादा 50 टक्क्यां वयर वाडटली. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत राज्य मागास वर्ग कल्याण मंत्री पी.प्रभाकर आनी महसूल मंत्री श्रीनिवास रेड्डी हांणी काल सांजवेळा हैदराबादांत सांगलें, मागास वर्गा खातीर 42 टक्के आरक्षण चालीक लावपाक सरकार वचनबद्ध आसा.

IMD – 45

भारतिय हवामान खात्यान आज राजस्थान, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडात काय सुवातींनी दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला. मेघालय, छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटकात फुडले दोन ते तीन दीस अशीच परिस्थिती आसतली. हिमाचल प्रदेशात अजूनूय  मान्सून सक्रिय आसा. राज्यांतल्या जायत्या वाठारांनी आयज घोग्यांनी पावस पडपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या. पंजाबा आतां मेरेनचो सगळ्यांत विध्वंसक हुंवाराक तोंड दिता.

Weightlifting – 60

अहमदाबादात जालल्या २५ व्या कॉमनवेल्थ सिनियर वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपात भारतान ४ भांगरा, ६ रुप्या आणि ३ कांस्यपदकां संयत १३ पदका जिंकून पदकतालिकेत पयली सुवात मेळयली. निमाण्या दिसा भारतीय वेटलिफ्टर्सनी दोन पदकां जिंकली, जातूंत मेहक शर्मान २५३ किलो वजन उखलून रौप्य पदक जिंकले. आणि ११०+ किलो वजनी गटाच्या निमाण्या फेरीत लवप्रीत सिंगन एकूण ३८० किलो वजन उखलून कांस्य पदक जिंकले.

Shooting – 40

कझाकस्तानांतल्या शिमकंदात जाल्ल्या सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत भारतान इतिहासीक कामगिरी केल्या. चॅम्पियनशिपांत पयलेच खेपे भारतान 50 भांगरा पदकां जिखून पदकतालिकेत पयली सुवात मेळयली. भारतान 26 रुप्या आनी 23 कांस्य पदकां सयत वट्ट 99 पदकां जिखल्यात. कझाकस्तान दुसरो आनी चीन तिसऱ्या सुवातेर आसा.